**युवकांनी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या योगदानातल्यान प्रेरणा घेवपाची गरज- श्री. वजरीकर**

ता. 14 डिसेंबर २०२१

स्वातंत्र्य सैनिक आनी राष्ट्रीय फुडाऱ्यांचो म्हान त्याग आनी योगदाना खातीर गोंय परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जालें. तांणी केल्लो त्याग आनी योगदाना पासून युवकांनी प्रेरणा घेवपाची गरज आसा, अशें शिक्षणतज्ज्ञ श्री. प्रकाश वजरीकर हांणी म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान Goa@60 आनी आझादी का अमृत महोत्सवाचो एक भाग म्हूण फोंडेच्या राजीव गांधी कला मंदिरांत आयोजीत व्याख्यानात उलयताना सांगलें.

गोंयच्या स्वातंत्र्य सैनिकांनी मुक्ती चळवळीक व्हड योगदान दिले. नामदेव हरमलकरा सारख्या स्वातंत्र्य सैनिकांचे योगदान आमी विसरपाक शकना. तांणी आग्वाद बंदखणीची नाकेबंदी तोडून दर्यातल्यान पेंवन मीरामार गाठले. मोहन रानडे, सुधाताई जोशी ह्या सारख्या स्वातंत्र्य सैनिकांनी गोंयकारांमदी स्वाभिमानाची ज्योत पेटयली. स्वातंत्र्य सैनिकांचो त्याग आनी संघर्शातल्यान 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंवा परकीय राजवटीतल्यान मुक्त जालें.

आपली अस्मिता सांबाळपाखातीर मातृभाशा महत्त्वाची आसा. आपलो इतिहास समजून घेतना आपल्या मातृभाशेचे मूळ, तिची वळख आनी इतिहास समजून घेवप आवश्यक आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

गोंयच्या इतिहासाचेर उलयताना तांणी मुक्तिपूर्व आनी मुक्ती उपरांतच्या परिस्थितीचेर उजवाड घातलो.

ह्या वेळार खेळ आनी युवा विभागाचे सहाय्यक संचालक डॉ.विवेक पवार, फोंडा तालुक्याच्यो सहाय्यक शारीरिक शिक्षणाधिकारी श्रीमती. नीलम मयेकर, फोंडा तालुक्याचे तालुका क्रीडा संघटक श्री. प्रकाश सतरकर, कार्यक्रम अधिकारी सुषमा गोबरे, लोककलाकार श्री. लाडू परवार आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

सर्वोदय एज्युकेशन सोसायटीचे विद्यार्थी आनी शिक्षक व्याख्यानाक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार गोंयच्या इतिहासाचेर ऑडिओ व्हिज्युअल फिल्म/व्हिडिओ दाखयले.

माहिती अधिकारी प्रकाश नाईक हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी व्याख्यान आयोजीत करपा फाटलो उद्देश सांगलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1039

--

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji